# <u>सरकार पुलीस खात्यात आनीक 200 ते 250 जागें भरतले</u>

ता. 18 जून 2021

राज्यांत गुन्यावांचे प्रमाण कमी करपाखातीर पुलीस खात्याची भुमिका म्हत्वाची आसून सरकार गुन्यांवकारांआड कडक कारवाय करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कोलवाळे पुलीस स्टेशनाच्या नव्या इमारतीचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

आमदार श्री. निळकंठ हळर्णकर, पुलीस महासंचालक श्री. मुकेश कुमार, जिल्हाधिकारी श्री. अजित रॉय, पुलीस महानिरीक्षक श्री. परमादित्य, पुलीस अधिक्षक श्री. शोभित सक्सेना, आयजीपी श्री. राजेश कुमार, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती दिक्षा कांदोळकर, उपसरपंच श्रीमती फडते आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान कोवीड म्हामारीच्या काळांत पुलीसांनी बजावलेल्या भुमिकेची तोखणाय करून कोवीड म्हामारीची गंभीर परिस्थिती हाताळताना सरकाराक खुप प्रयत्न करचे पडले, अशें सांगले. ह्या संकटाच्या काळांत राज्यांत कायदो आनी सुवेवस्था राखपाखातीर गृह खात्यान बरे काम केले.

सरकारान पुलीस खात्यात 940 जागे भरपाखातीर हे आदीच जायरात दिल्ली आसून रोखडेच आनीक 200 ते 250 जागे भरपाखातीर जायरात दितले आनी हे सगळें जागे स म्हयन्यांभितर भरपातयेतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

गोंयांत विकासाच्या प्रत्येक मळार नवी क्रांती घडोवपाखातीर गोंय सरकारचे प्रयत्न चालू आसून आयज गोंय क्रांती दिसाच्या शुभ प्रसंगार कोलवाळे आनी मायणा कुडतरी पुलीस स्टेशनाच्या नव्या इमारतीचे उक्तावण जाता, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान राज्यांत आवश्यक साधनसुविधां निर्माण करपाखातीर सरकार सगळें तरेन प्रयत्न करता, अशें सांगले. शिक्षणाच्या मळार सरकारान आयच्यान कोडिंग आनी रोबोटीक सुरू करपाचे पावल मारला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

आमदार श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी आपल्या उलोवपात फाटल्या दोन वर्सांच्या काळांत सरकारान अनेक म्हत्वाचे विकास प्रकल्प पुर्ण केल्ल्याचो उल्लेख करून कोलवाळच्या पुलीस स्टेशनाखातीर नवीन इमारत बांदपाची मागणी पुर्ण केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यांचे उपकार मानले.

पुलीस अधिक्षक श्री. शोभित सक्सेना हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/544

-

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji